आकाशवाणी पणजी

Date :24 /04/2025

प्रादेशिक  खबरो

7.25 AM

गोंय पशुवैजकीय आनी विन्यन महाविद्यलाय  खातीर फोण्या कुर्टीची 60 हजार चौखण मीटर आनी कुळेची लाख चौखण मीटर सुवात दीवपाच्या निर्णयाक आयज मंत्रीमंडळान मान्यताय दील्या. हे शिवाय चींबल हांगा प्रशासन स्तंभ बांदपाखातीर IT dept ची 25 हजार चौखण मीटर  जागा goa administration dept. दीला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. म्हायती तंत्रज्ञान खात्याची चींबल हांगची 6250 चौखण मीटर जागा पर्यटन खात्याक दीवपाचो निर्णय आयज दीला.

जम्मू कश्मीरातल्या  26 गोंयकारांच्या संपर्कात गोंय सरकार अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.  जाल्यार गोंयची तीन जोडपी आकांतवादी हल्ल्याच्या दीसा पहलगाम आशील्ली, मात ती हल्ल्याच्या पयली थंयच्यान दुसरीकडे गेल्यान सुरक्षित आसात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दीला.

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याच्या फांटभुयेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी  आपल्या वाडदीसाच्यो सगळ्यो कार्यावळी रद्द केल्यात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान आयज पर्वरे मंत्रालयात दील्या.  मात वाढदीसाच्या निमतान आयोजीत सेवा कार्यावळी जातल्यो अशे तांणी कळीत केला. वाढदीसाच्यो शुभेच्छा घेवपाक आपुण उपलब्ध आसचो ना अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. तशेंच ह्या हल्याचो गोय सरकारावतीन मुखेलमंत्र्या नीशेध केला. जे लोक आनी पर्यटक ह्या हल्ल्यात मरण पावल्यात तांका मुखेलमंत्र्यान आर्गां ओपल्या.

महसूल सचीव आनी राज्य आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाचे अध्यक्ष श्री संदीप जॅकीस हांणी  पर्वरे सचिवालयांत सरकारी खात्यांच्या  अधिका-यांची बसका घेवन मान्सूनपूर्व तयारीच्या कामांचो आनी उपाय येवजणांचो नियाळ  घेतलो.  मॉन्सून हंगामात साबार  आव्हानांक तोंड दिवचे पडटा. अशी आव्हानां कमी करपा खातीर संबंदीत यंत्रणांनी वेळार उपाय आनी तयारी करपाची गरज श्री. जॅकीस उक्तायली.मॉन्सूनाच्या काळांत गोंयांत निर्माण जावपी कसल्याय  आपत्कालीन परिस्थितीक तोंड दिवपा खातीर संबंदीत यंत्रणांनी तयार रावपाची आनी कसल्याय  आपत्तीच्या वेळार  जीव तशेंच मालमत्ता वाचोवपा खातीर कर्मचाऱ्यांक आवश्यक प्रशिक्षण दिवन तयार दवरपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें.सध्या गर्मीच्या त्रासापासून बचाव करपा खातीर उपाय आनी खबरदारी घेवपा बाबातीत लोकांमदी जागृताय करप, हॉस्पिटलांनी वीज पुरवण सुरळीत दवरप, उदका पुरवण सुरळीत दवरप, रान वाठारांनी उज्याच्यो घडणूको टाळपाखातीर उपाय करप, पार्क, अभयारण्य आनी रान वाठारांनी जनावरां खातीर पिवपाच्या उदकाची उपलब्धा पळोवप, शाळांनी पिवपाचे उदक उपलब्ध करप, सावळे खातीर शेड उबारप, मनरेगा आनी बांदकाम कामगारां खातीर कामाच्या थळार शेड उबारप, वृध्दाश्रमांनी आवश्यक उपाय करप अशां साबार विशयांचेर बसकेत चर्चा जाली. मॉन्सूनात पूर येवप, झाडां पडप, पालसणां कोसळवप ह्या सारख्या सैमीक आपत्तीच्यो घडणूको घडटाट. तशेंच चिऱ्याच्या खणींनी बुडपाच्यो घडटात. थंय आवश्यक उपाय करपाची गरज आसा. मोडपाक आयिल्ल्या लायटीच्या खांब्याचो सोद घेवन थंय नवीन खांबे घालपाची गरज आसा, अशों साबार आपत्तीच्यो घडणूको टाळपा कातीर आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणांनी 24X7 अशा तरेन सक्रिय रावपाक जाय, अशेंय श्री. जॅकीस हांणी सांगलें.  दोनीय जिल्ह्यांनी आपत्ती वेवस्थापन नियंत्रण कक्ष स्थापन केल्ले आसात.

**राष्ट्रीय एमएसएमई पुरस्कार 2024 खातीर अर्ज मागयल्यात**

भारत सरकाराच्या सूक्ष्म,  लघु आनी मध्यम उद्देग मंत्रालयान राष्ट्रीय एमएसएमई पुरस्कार 2024 खातीर अर्ज मागयल्यात. गोंय सरकारच्या उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालया खाला कार्यरत आशिल्ल्या सूक्ष्म आनी लघु उद्देगांनी ह्या पुरस्कारा खातीर अर्ज करपाची विनंती केल्या. राज्यांत सूक्ष्म आनी ल्हान उद्देगांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर हे पुरस्कार दितात.

गोंय राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्था, पर्वरी हांणी २०२४-२५ वर्साचो विज्ञान प्रज्ञाशोध शिश्यवृत्ती परिक्षेचो निकाल आयज जाहीर केला. ही परिक्षा १९ जानेवारी २०२५ दिसा राज्यांतल्या वेगवेगळ्या उच्च माध्यमीक शाळांनी शिकपी इकरावी आनी बारावी वर्गाच्या विज्ञान फाट्यांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर जाल्ली. हे प्राज्ञेशोध शिश्यवृत्ती परिक्षेंत पात्र थारिल्ल्या विद्यार्थ्यांनी आपलें बँक खातें आनी तें विशींची सविस्तर म्हायती गोंय राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेक तांच्या पर्वरी कार्यालयांत सादर करची अशें ह्या संस्थेच्यो प्रशासकीय संचालक सरिता गडगिळ हांणी मांगला . . विज्ञान प्रज्ञा शोध शिश्यवृत्ती परिक्षेक पात्र थारिल्ल्या विद्यार्थ्यां विशीं म्हायती एससीईआरटी संकेतथळार उपलब्ध आसा अशेंय तांणी सांगलें.

पहलगाम कश्मीर जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याच्या फाटभूंयेर 25 ते 27 एप्रिल मजगती जावपी काजू महोत्सव मुखार धुकल्ला. महोत्सवाची नवी तारीख बेगीनूच जाहीर करतले, अशी म्हायती आयोजकांनी दिल्या. ***तिसरो काजू महोत्सव*** 25, 26 आनी 27 एप्रिल हे तीन दीस पणजे दयानंद बांदोडकर मैदानाचेर गोंय रान उदरगत महामंडळ आयोजीत करपाक आशिल्ले. पूण आयज म्हामंडळान कळोवणी काडून हो महोत्सव फुडे धुकल्ल्याचे जाहीर केलां.

दक्षीण गोंयांत 25 एप्रिल 2025 दिसा सकाळी 8.00 ते दनपारां 3.00 वरां मेरेन मुरगांव पोर्ट प्राधिकरण, गोवा शिपयार्ड, वाडे मैदान, आयओसीएल, एचपी टर्मिनल, बायणा बीच, चौगुले शिपयार्ड, फोंडा मामलेदार कार्यालय, मुर्डीबाग खांडेपार, नाकेरी बेतूल पंचायत हांगा दक्षीण गोंय जिल्हा आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणा वतीन चक्रीवादळ आपत्तीचेर मॉकड्रिल कवायत शिबीर आयोजीत करपात येतले.

राज्यांत फुडल्या 2 ते 3 दिसानी राज्यांतलें तापमान चडांत चड ३४ .ते३५ आंव सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २४ 26 अंश सेल्सियस मर्दी आसतलें असो अदमास पणजी वेधशाळेन उक्तायला .२३एप्रिल तें २६ एप्रिल मजगतीं राज्यांतलें हवामान मान सुकें उरपाची शक्यताय आसा.